*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*सरकारी पत्रक*

**मुख्यमंत्र्यान वेगवेगळ्यां खात्यांच्या खर्चाचो नियाळ घेतलो**

ता. 29 ऑक्टोबर 2019

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सोमारा दिसा सचिवालयांत वेगवेगळ्यां सरकारी खात्यांनी 30 सप्टेंबर 2019 मेरेन केल्ल्या खर्चाचो नियाळ घेतलो. सरकारी खात्यांनी केल्लो एकंदर खर्च सुमार 32 प्रतिशें, महसूली खर्च सुमार 38 प्रतिशें आनी भांडवल खर्च 20 प्रतिशें आसा. 30 सप्टेंबर 2019 मेरेनचो वट्ट खर्च 6612 कोटी रूपया आसा, अशी म्हायती मुख्यमंत्र्यान दिली.

फाटल्या वर्सा ह्याच काळांत सुमार 32 प्रतिशें खर्च केल्लो. मुख्यमंत्र्यान मुखेल अशां 48 खात्यांच्या खर्चाचो नियाळ घेतलो, जांचो वट्ट खर्च सुमार 86 प्रतिशें आसा. मुख्यमंत्र्यान खात्यांच्या मुखेल्यांक नेमान खर्चाचो नियाळ घेवपाक सांगले, जेणे करून डिसेंबर 2019 पयली 70 प्रतिशें तरी खर्च जातलो.

तांणी सगळ्यां खात्यांच्या मुखेल्यांक केंद्र सरकारा कडल्यान मेळपी निधीचो योग्य आनी पुरेपूर वापर करून नेमान खर्चाचो अहवाल दिवपाक सांगले. तशेंच तांणी खात्यांच्या मुखेल्यांक कामकाजाची यंत्रणां कार्यक्षम करपाचोय निर्देश दिलो.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2019/752

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA